Akashvani Panaji 30 march 2025 regional bulletin

संवसार पाडव्या निमतान मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत समेस्त गोंयकारांक सुख, समृध्दी, बरी भलायकी, आनी नवी संद मेळचे खातीर परबी दिल्ल्यात . “चैत्र महिन्याचो पयलो दिस म्हळयार संवसार पाडवो ह्या दिसा हिंदूच्या नव्या वर्षाची सुरुवात जाता ‘घुडी ’ हे एक सुंदर सजावटीचे प्रतीक आसा जे फुला आनी आंब्याच्या पानांनी सजयतात आनी ते विजय, समृद्धी आणि नव्या सुरुवातीचे प्रतिनिधित्व करता जाल्यार ‘पाडवों ’ चंद्राच्या पयल्या दिवसाचे प्रतीक आसा अशे मुखेलमंत्रयनी आपल्या आहे.” संदेशांत म्हळा . आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपूर्ण गोंयाच्या ध्येया प्रमाण हो उत्सव आसा हाचेर ताणी भर दिलो. दरेका गोंयकारान आत्मनिर्भरताय, नवनिर्मण आनी सामुहीक उदरगतीची भावना आपणावपाचो उलो ताणी मारलो. ह्या पवित्र उत्सवांतल्यान प्रेरणा घेवन आमी एक समृध्द स्वयंपूर्ण गोंय तयार करपाक स्वताक समर्पित करूंया, आनी विकसीत भारताच्या दृश्टीकोनाक योगदान दिवया " अशें तांणी सांगलें.

---

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी गोंयांत सांखळी शिक्षणीक केंद्र म्हूण उदेता अशें सांगलां. शुक्रारा सांखळींतल्या शिगमोत्सव उत्सवाक हाजीर रावतना तांणी हें सांगले. गोंयभरांत शिगमोत्सवा साऱखीलले उत्सव घडोवन हाडून गोंय सरकारान राज्याचें गिरेस्त सांस्कृतीक दायज दाखोवपाचो यत्न केला अशे मुखेलमंत्री डॉ सावंत हांणी भर दिलो. राज्याची खाशेली संस्कृतीक अस्मिताय वाडोवपाचो आनी तिगोवन दवरपाचोय सरकाराचो हेत आसा अशे तांणी सांगले .

---

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी श्री दत्त नायक जी हांकां आर्गां ओपून काल पणजेंत मार्गदर्शन केलें.आणीबाणी आड चळवळ, आसाम चळवळ, गोंय राजभाषा चळवळ आनी हेरां सयत राश्ट्रीय म्हत्वाच्या जायत्या चळवळींनी आनी गोंया खातीर श्री दत्त नायक जी हांच्या अफाट योगदानाचेर तांणी उलोवप केलें. एक समर्पीत आयोजक आनी शिक्षणतज्ञ म्हूण श्री दत्त नायक हांणी तरणाट्यां पिळग्यांक पोसवण दिली, समाजीक कामां हातांत घेवन तांचे खातीर अथक परिश्रम

केलें. तांणी स्थापन केल्ल्या शिक्षणीक आनी हेर संस्थां वरवीं तांचे आदर्श आनी उद्दिष्ठ राश्ट्रीय भावना निर्माण करतली अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हणले.

---

शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हाणी गोवा मंडळाचे अध्यक्ष भागीरथ शेटये आनी राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळscertच्यो संचालक श्रीमती मेघना शेटगांवकार हांच्या हाजिरेंत काल scert ,पर्वरी हांगा शिक्षणीक वर्साच्या सुरवाटे संबंदीं प्रसार माध्यमांक मार्गदर्शन केलें . SCERT,संचालक प्रशासक श्रीमती सरिता गडगि ह्या वेळार हाजीर आशिल्ल्यो .शाळा परतून सुरू करपाक कळाव जाल्ल्या संबंदी शिक्षण खात्याक पालकांकडल्यान वट्ट 4,047 तक्रार मेळ्ळयात. ह्यो तक्रारी एका समान आसून फकत वेगवेगळीं स्वाक्षरी केल्ल्याचो आस्पाव जाता. विषय संचालन समितीन नवे शिक्षणीक वर्स 7 एप्रीलाक फकत सव्वी ते धाव्वी आनी बाराव्या वर्गा खातीर सुरू करपाचें थारायलां. शाळा सकाळीं 11:30 मेरेन आसतल्यो. गिमाची सुटी 1 मे ते 4 जून मेरेन आसतली अशे शैलेश झिंगडे हाणी म्हणला.

---

हिंदू पंचांगाप्रमाण आयज नवें वर्स सुरु जाता. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा म्हळ्यार नव्या वर्साचो पयलो दिस. साडेतीन म्हुर्तातलो हो 'एक' शुभ म्हूर्त अशें मानतात. आयज सावन शालीवाहन शक १९४७ ' विश्‍वावसू' संवत्सर सुरू जाता. फाल्या सकाळी गुढी पूजन करून ह्या दिसाच्यो कार्यावळी सुरु जातात. शुभ म्हूर्त आशिल्या कारणान घरप्रवेश, नवी आस्थापनां सुरु करप, नव्या प्रकल्पांची पायांभरणी करप, नवो धंदो वेवसाय सुरु करप अशी कितलींशींच कामां फाल्याचो दिस बरो मानून सुरु जातात. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा ते चैत्र शुद्ध नम अशें णव दिस रामनवरात्र मनयतात. भजन, कीर्तन, नामस्मरण अश्या कार्यावळींचो तांतूत आसपाव जाता. वर्षभरात हिंदू पंचागां प्रमाण साडेतीन म्हूर्त शुभ मानतात.

---

पणजेंतल्या पशुपालन आनी पशुवैजकी खातें राष्ट्रीय पशुरोग नियंत्रण कार्यावळीखाला 1 एप्रील सावन जनावरांच्या पांय आनी तोंडाच्या दुयेंसां आड लस दिवपाची कार्यावळ सुरू करतले. ही कार्यावळ 30 दीस चलतली.ह्या कार्यावळी खाला सगळ्या गोरवांक लस दिवपाचे सगळे यत्न करतले आनी लस दिवचे पयलीं आनी उपरांत सीराचे नमुने घेवन जनावरांची रोगप्रतिकार शक्त तपासतले.